**अबकारी कर आयुक्तां वतीन घाऊक गुदांव, उत्पादन केंद्रा बंद करपाचो आदेश**

खंयच्याय समाज विरोधी घटकांक गुप्त रितीन मद्यविक्री करपाच्या खंयच्याय यत्ना पासून प्रतिबंधीत करपाचे द्रश्टीन अबकारी कर आयुक्त कार्यालयान लॉकडावन सोंपता मेरेन घाऊक आनी उत्पादन केंद्रांचें सगळें आवार/बॉन्ड्स/गुदांवां बंद करपाचों आदेश दिला .

अबकारी कर अधिक्षक आनी अबकारी कर निरीक्षकांक लॉकडावन कालावधी मेरेन सगळ्या केंद्र आनी घाऊक विक्रेत्यांचें आवार/गुदांवां बॉन्ड्स बंद करपाचो निर्देश दिला. किरकोळ विक्रेत्यां आड कसलीच कागाळ आयल्यार अशाच प्रकाराची कारवाय करतले. अबकारी कर निरीक्षक हे आपल्या अधिकार क्षेत्रांत सदांच नेमान तपासणी करतात आनी मेळिल्ल्या म्हायतीचेर रोखडेंच काम करतात. लॉकडावनाच्या सुरवाते सावन आता मेरेन खात्यान 11 प्रकरणां नोंद केल्यात आनी दोशी परवानो धारकांचें परवाने रद्द केल्यात.

आयज मुरगावच्या एका परवानो धारकाच्या घरांतल्यान बंद बाटलीतल्यान अवैधरित्या सोर्याची विक्री जाता अशी म्हायती मेळ्या उपरांत, अबकारी कर खात्यान धाड घालून 9 लाख रू. चो 319 सोरो जप्त केलो.

अबकारी कर खात्यान हाचे पयली परिपत्रक जारी करून लॉकडावन सोपता मेरेन उत्पादन आनी सगळ्या प्रकारचे परवाने रद्द करपाक सांगिल्ले. तशेंच, सगळ्या अधिकार्यांक चेक पोस्ट्स, जेटी आनी हेर संवेदनशील क्षेत्रांचेर सतर्कताय वाडोवपाक सांगले.

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA